Panaji national 10 february 2025 at 6.30pm

330'परीक्षा पे चर्चा'

परिक्षेचो ताण जाणवता? प्रधान मंत्री मोदीजी घेवन आयल्यात # PPC 2025! 10 फेब्रुवारी सावन सकाळीं 11 वरांचेर परिक्षेची तयारी, ताण वेवस्थापन आनी येसस्वी जावपा खातीर टिप्स शिकात. चुकोवंक नाकात!

आजच्या भागात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शिक्षणाचें म्हत्व उक्तें करून शिक्षण सर्वांगीण उदरगती खातीर आसा शिक्षणाचे महत्त्व अधोरेखित केले. नवी दिल्लींत 'परीक्षा पे चर्चा' या लोकप्रिय संवादात्मक कार्यावळीच्या'च्या आठव्या आवृत्तींत विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतना तांणी हें विधान केलें. आयज प्रसिद्ध केल्ल्या व्हिडियोंत प्रधानमंत्र्यान परिक्षेच्या वेळार ताण आनी चिंता कशी पयस करची हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें.

ह्या संवादांत प्रधानमंत्र्यान विद्यार्थ्यांक चौकटीत अडकून चौकटीत असो सल्लो दिलो. विद्यार्थ्यांक वाढी खातीर आपली आवड सोदून काडपाचें स्वातंत्र्य जाय अशें तांणी भर दिलो. परिक्षा हेच सर्वस्वअशें कल्पनेन जगूंक फावना अशें मोदींनी नमूद केले. विद्यार्थी रोबॉट न्हय अशें अधोरेखित करून,प्रधानमंत्र्यान सांगलें की जर, विद्यार्थी पुस्तकांत अडकले जाल्यार ते वाडूंक शकनात. परिक्षेंत बरे कामगिरी करपा खातीर विद्यार्थ्यांनी आपल्या आवडीच्या कामांनी वांटो घेवचो असो उल्लेख तांणी केला. प्रधानमंत्र्यान विद्यार्थ्यांक बरोवपाची संवय लावपाचो सल्लो दिलो.

प्रधानमंत्र्यान पोशण आनी निरोगीपणाचे म्हत्व उक्तें करून विद्यार्थ्यांक स्वतःक निरोगी दवरपाक बाजरी आनी भाजी खावपाचो सल्लो दिलो. वैजकी शास्त्र न्हिदेचें म्हत्व वळखता हाचेर भर दिवन न्हीद पोशणाचेर

आदारून आसता अशेंय तांणी नदरेक हाडलें. सकाळच्या वतात घालपाक ताणें विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहित केले

कमी गुणांक लागून घरांत तणावपूर्ण वातावरण निर्माण जाता हें मान्य करून तांणी विद्यार्थ्यांक दबाव कसो पयस करचो हाचेर टिप्स दिल्यो. ह्या दबावाक लागून ताण येनासतना तयारी करची आनी स्वताक आव्हान दित रावपाचो सल्लो तांणी दिलो.

आकाशवाणी, दूरदर्शन, स्वयं, स्वयं प्रभा, पीएमओ यूट्यूब चॅनेल आणि शिक्षण आणि माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या सोशल मीडिया चॅनेलवर थेट प्रसारीत जाता. हे आवृत्तींत सगळ्या राज्यांतल्यान आनी केंद्रशासित प्रदेशांल्यान सुमार छत्तीस विद्यार्थ्यांक प्रधानमंत्र्या कडेन थेट संवाद सादपा खातीर वेंचून काडल्यात. 5 कोटी वयर सहभागी आशिल्ल्या ह्या वर्साची ही कार्यावळ एक भौशीक चळवळ म्हूण आपलो दर्जो दाखयता, शिक्षणाच्या सामुहीक उत्सवाक प्रेरणा दिता.

परीक्षा पे चर्चा २०२५ सात अभ्यासपूर्ण भाग आसतले, तातूंत वेगवेगळ्या मळां वयल्या नामनेच्या व्यक्तींक एकठांय हाडून विद्यार्थ्यांक जिणेच्या आनी शिक्षणाच्या गरजेच्या पैलूंर मार्गदर्शन करतले. फाटल्या कांय वर्सांत परीक्षा पे चर्चा परिक्षे संबंदीत ताणाचे सकारात्मक उर्जेंत रुपांतरीत करपाच उद्देशान एक संधी म्हणून विकसित जाल्या.

80 मांडविया

कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी बायलां खातीर वेतन असमानता आनी कामाच्या सुवातेर सुरक्षीतताय अशा प्रस्नांचेर उपाय काडपा खातीर सरकारान कायदे आनी हेर उपाय केल्यात अशें सांगलें.

लोकसभेत लेखी जापेत  तांणी सांगले की, बायलां कामगारांची सुरक्षीतताय आनी कल्याण सुनिश्चीत करपा खातीर सरकारान मालकांक सल्लागारांसयत  खुपशे कायदे आनी पगार संहिता लागू केल्यात.

तशेंच बायलांची रोजगारक्षमता वाडोवपा खातीर मिशन शक्ती, नमो ड्रोन दीदी, लखपती दीदी अशो बायलां केंद्रीत येवजण्यो आनी राष्ट्रीय आनी प्रादेशिक वेवसायीक प्रशिक्षण संस्थांनी खाशेले कार्यावळी राबयतात अशें मंत्री मांडविया हांणी सांगलें.

160 सीतारमण

फकत चलनांची ‘टोपलीच’ म्हण न्हय तर फावो  तितले  भांगर विकतें घेवपाची खात्री रिझर्व्ह बँक करता अशें सरकारान आयज सांगलें. प्रस्नांक जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें की अमेरिकन डॉलर हो आरबीआयन राखून दवरिल्लो मुखेल चलन साठो. हेर देशांतल्या वेगवेगळ्या मूल्यांतल्या चलनांचोय साठो आरबीआय कडेन आसा. खंयचाय अनुत्पादक मालमत्तेच्या (एनपीए) बाबतीत आसल्यार भांगराच्या रिणांचो लिलाव करपा खातीर सामकी कडक कार्यपद्दती आंखल्या अशें तिणें सांगलें.

बिगर बँकींग अर्थीक कंपनींक आनी नियोजीत वेपारी बँकांक भांगराचें रीण फारीक करपा संबंदी ह्याच नेमा प्रमाण मार्गदर्शन केलां. बँक खातेंधारकांक रीण फारीक करपाक मेळना जाल्यार जायत्यो नोटीस दितात आनी फारीक करूंक ना जाल्यार रिणां दिवपी एजन्सीक भांगराचो लिलाव करचो पडटलो अशी आदींच म्हायती दिताले अशें तिणें सांगलें.

लिलावाच्या खंयचेय परिस्थितींत खातें धारकाक म्हायती दिवपा खातीर सुव्यवस्थित  मार्गदर्शक तत्वां आसतात. खातेंधारकांची उपस्थितीशिवाय वा तांच्या जिल्ह्यां भायर लिलाव करपाक मेळना अशें तिणें सांगलें.

मूल्यांकन केल्याशिवाय लिलाव करपाक मेळना आनी तो खंयच्याय दरान जायना आनी एनबीएफसीक एक बेंचमार्क करचो पडटा जो करपाक फाटल्या दोन-तीन म्हयन्यांत भांगराच्या दराच्या 80 टक्क्यां परस उणो आसूंक शकना अशें तिणें सांगलें